Akashwani Panaji

Regional news

7.20 pm 25th Feb 2026

जाचेकडेन निर्णय घेवपाची ताक , आत्मविश्वास, सहभागाची भावना तशेचं विचारपुर्वक अभ्यासु वृत्तीतल्यान काम करपाची क्षमता , पाशयेस, आसा तो एक बरो नेतृत्व करपी फुडारी जावपाक शकता, फुडारी म्हणल्यार फकत राजकीय फुडारी न्ही अशे मुखेलमंत्री dr प्रमोद सावंत हाणी म्हणला. हेर मळार लेगीत बऱ्या फुडाऱ्यांची गरज आयज देशाक आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मुखार म्हणला.ते विद्यार्थी संसद सर्ती वेळार उलयताले.गोंय विधानसभेत पयली जशी वेगवेगळय मुद्याचेंर चर्चा जाताली तशी आता जायना, ताचो दर्जो आता देवला असो हुस्को ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यानी उक्तायलो . जेन झी, आनी जेन आल्फाचेरं विकसित भारत साकारपाखातीर व्हड जवाबदारी आसा, देशाच्य वावरांत तांणी तांच्या तरेन योगदान दिवचे अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यानी केला. विकसित भारत, स्वयंपुर्ण गोंय,करतना दर एक नागरीकांन जापसालदारकिन वागप महत्वाचे. आम्ही आता ए. आयच्य युगात पावल्यात ताका लागुन तंत्रिन गिन्यान आत्मसात करप आनी ताचो उपेग करून तरणाट्यांनी मुखार सरपाक जाय, तशेचं वेगवेगळय मळार आशिल्लया संद्याचो लाव घेवपाक जाय अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यानी म्हळा.

ह्यावेळार गोंय विधानसभेचे सबापती गणेश गांवकार, उपसभापती जोश्युवा डीसैझा, विधीमंडळ शिश्टाचार मंत्री माविन गुदिन्हो , आदले आमदार, मंत्री, तशेंच संसद सर्ती वाटो घेतिल्ले विद्यार्थी हाजीर आशिल्ले. ही कार्याविळ पर्वर सचिवालयाच्या सभाघरात जाली.

28 फेब्रुवारी ते 1 मार्च मेरेन कला अकादमींत 42 वो सुरश्री केसरबाई केरकार संगीत महोत्सव जातलो. 28 तारखेक सांजवेळा 5 वरांचेर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं ह्या महोत्सवाचे उक्तावण जातले . थळाव्या आनी देशभरांतले नामनेचे कलाकार ह्या महोत्सवांत शास्त्रीय संगीत आनी नाच सादर करतले अशें कला अकादेमीचे अध्यक्ष चंद्रकांत कवळेकार हांणी सांगलें. पणजे जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. कांय कारणांक लागून फाटलीं तीन वर्सा हो महोत्सव घडोवन हाडूंक नाशिल्ल्याचें कवळेकार हांणी सांगलें. ह्या वर्सा हो महोत्सव घडोवन हाडपाचें थारायलां. उक्तावण सुवाळया उपरांत गोंयच्यो पल्लवी पाटील शास्त्रीय गायन सादर करतल्यो . हाचे उपरांत सांजवेळा 6.30 वरांचेर मुंबयचे भाग्येश मराठे गायन सादर करतले. 1 मार्चाक गोंयच्यान शकुंतला भरणे सकाळीं 10.30 वरांचेर गायन सादर करतल्यो . रातच्या 11.45 वरांचेर छत्तीसगडांतल्यान आर्या नांदे ओडिसी नाच सादर करतल्यो .1 मार्चाक सांजवेळा 4.30 वरांचेर किशोर तेली आनी बुड्डेश तालकर हांचे मदली जुगलबंदी पळोवपाची संद मेळटली. सांजवेळा 5.45 वरांचेर दिल्लींतल्यान मीता पंडित शास्त्रीय गायन सादर करतली. सांजवेळा 7.30 वरांचेर रघुनंदन पणशीकार गायतले. रोहिदास परब, अमर मोपकार, शैलेश गांवकार, मयंक बेडेकर, उदय कुलकर्णी, सुभाष फातर्पेकार, दत्तराज सुर्लीकार, दत्तराज म्हाळशी, वसंत गांवकार आनी वसीम खान ह्या महोत्सवाक साथ दितले अशें कवळेकार हांणी सांगलें.

राज्यांतल्या १२ ग्रामपंचायतींच्या १४ रीत्या प्रभागाखातीर जावपी पोटवेंचणुकेत २७ उमेदवारांनी वट्ट ३० अर्ज दाखल केल्यात. नामांकनां दाखल करपाचो आज निमाणो दीस आशिल्लो. अर्जांची छाननी फाल्या २६ तारखेक जातली आनी २७ तारखेक अर्ज फाटी घेवपाचो दिस आसतलो. हें पोटवेचणूकेचे मतदान आयतारा ८ मार्चाक जातलें आनी मतमेजणी सोमारा ९ मार्चाक जातली.

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे अधिवेशनाच्या पयल्याच दिसा 6 मार्चाक 2026 - 27 वर्साचो अर्थसंकल्प सभाघरांत सादर करतले. अर्थसंकल्पाचेर 9 आनी 10 मार्चाक चर्चा जातली. , अधिवेशनाच्या निमणे दिसा 27 मार्चाक विनियोग विधेयक सादर जातलें, अशी म्हायती सभापती गणेश गांवकार हांणी कामकाज सल्लागार समितीचे बसके उपरांत दिली.विधान सभेत आयज अर्थसंकल्पी अधिवेशनाचें कामकाज थारावपा खातीर सभापती गणेश गांवकार हांचे फुडारपणा खाला बसका जाली. हे बसकेक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, आमदार विजय सरदेसाय आनी हेर वांगडी हाजीर आशिल्ले. अधिवेशनांत आतां मेरेन 563 अतारांकित जाल्यार 1832 अतारांकित प्रस्न आयल्या.अर्थसंकल्पाचेर चर्चा जाले उपरांत 11 मार्च सावन खात्यांच्या मागण्यांचेर चर्चा सुरू जातली. 11 दीस अनुदानाची मागणी जातली.. अधिवेशनाच्या निमणे दिसा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत विनियोग विधेयक सादर करतले. हे भायर पुरवणी मागण्यांचें विधेयक सादर जातलें. अधिवेशनांत 15 खासगी प्रस्ताव चर्चेक घेतले. आमदारां कडल्यान जीं विधेयकां आयल्यां तीं संबंधीत खात्यांक धाडून दिल्या. खात्यांकडल्यान मान्यताय मेळ्ळी जाल्यार ती अधिवेशनांत चर्चेक येतली, अशें सभापती गणेश गांवकार हांणी सांगलें.इतलेमजगती शुक्रार हो खासगी थाराव मांडपाचो दीस आशील्ल्यान ह्या दीसा अर्थसंकलल्प मांडचे परस तो हेर खंयच्या दीसा मांडचो अशी प्रतीक्रीया विरोधी पक्षातल्या फुडाऱ्यांनी व्यक्त केला.अर्थसंकल्पिय अधिवेशन 6-26 मार्च ह्या काळात 14 दीस चलतले.

नगर नियोजन कायद्याच्या कलम 39 (अ) चेर विधानसभेंत चर्चा जावंक जाय. चादशा विरोधी आमदारांनी ताचेर चर्चा करपाक तेंको दिला,तशेंच विधानसभा कामकाजावेळार सभाघरांतले शिश्टाचार तिगोवन दवरप महत्वाचे आसा अशे विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हाणी म्हणला. ह्या अधिवेशनाखातीर दिल्लो काळ खुब्ब उणो आसा. ह्या पाच वर्साच्या राजकीय काळातले , विधानसभा वेचणुके पयलीचे हे निमणे अर्शसंकल्पिय अधिवेशन, ताका लागुन ते ३० दिसाची जावपाक जाय. मात फकत १४ दिसाचे अधिवेशन ह्यावेळार करपाचो निर्णय जाला. हाका लागुन गोंयातले वेगेवगळे विशय मांडपाक उणो वेळ मेळटलो. विरोधी आमदारांक उलोवपाक वेळ दिवचो अशीय विनवणी आयज जाल्या कामकाज सल्लागार समितीच्य बसकेत विरोधी पक्षाच्या आमदारांनी केल्या.

नशा मुक्त भारत अभियाना खाला गोंयांत 27 फेब्रुवारीक बांबोळेच्या श्यामा प्रसाद मुखर्जी मैदानार भव्य युवा रॅली जातली. सामाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण खात्यान गोंय सरकाराच्या सहकार्यान ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या. या कार्यावळीवेळार मुखेलमंत्री DR प्रमोद सावंत आनी केंद्रीय मंत्री वीरेंद्र कुमार हाजीर आसतले. या वेळार घुवळी वखदा विरोधी सामुहीक प्रतिज्ञा, सांस्कृतीक कार्यावळी आनी स्वयंसेवकांचो भोवमान जावपाचो आसा. 2020 वर्सा सुरू जाल्ली ही

मोहीम देशभरांतल्या सुमार 26 कोटी लोकां मेरेन पावल्या. ह्या मोहिमेचो घुवली वखदांचा वायट परिणामा आड तरणाट्यांचो सहभाग घटमूट करपाचो हेतू आसा.

भारतीय सैन्य दळात अग्निवीर जनरल ड्युटी, अग्निवीर तांत्रिकी, अग्निवीर क्लर्क/स्टोअर किपर टेक्निकल, अग्निवीर ट्रेडसमन 8 वी आनी अग्निवीर ट्रेडसमन 10 वी पदांच्या भरती खातीर 13 फेब्रुवारी 2026 सावन नोंदणी सुरू जाल्या आनी ही नोंदणी 1 एप्रिल 2026 मेरेन चालू आसतली.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 33 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 26 औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

गोय क्रिकेट संघटनेन आयोजित केल्ल्या १६ वर्सा पिराये सकयल्या आंतर शालेय सालसेत विभाग दिलीप सरदेसाई करंड क्रिकेट स्पर्धेत महिला नूतन हायस्कुल आनी फादर आग्नेल multipurpose हायस्कुल जयतिवंत जाले आनी फुड़लया फेरयेंत पावल घाले.